Peer Reviewed Referred
and
UGC Listed Journal
(Journal No. 40776)

AN INTERNATIONAL MULTIDISCIPLINARY
QUARTERLY RESEARCH JOURNAL
ISSN 2277-5730



# AJANTA

Volume - VII, Issue - IV
Marathi Part - II
October - December - 2018

IMPACT FACTOR / INDEXING
2018 - 5.5
www.sjifactor.com

AJANTA PRAKASHAN

ISSN 2277 - 5730
AN INTERNATIONAL MULTIDISCIPLINARY QUARTERLY RESEARCH JOURNAL

# AJANTA

Volume - VII | Issue - IV | MARATHI PART - II | October - December - 2018

Peer Reviewed Referred and UGC Listed Journal

Journal No. 40776

ज्ञान-विज्ञान विमुक्तये

IMPACT FACTOR / INDEXING
2018 - 5.5
www.sjifactor.com

❖ EDITOR ❖
Asst. Prof. Vinay Shankarrao Hatole
M.Sc (Maths), M.B.A. (Mktg.), M.B.A. (H.R.),
M.Drama (Acting), M.Drama (Prod. & Dir.), M.Ed.

❖ PUBLISHED BY ❖

Ajanta Prakashan
Aurangabad. (M.S.)

# CONTENTS OF MARATHI PART - II


| Sr. No. | Name & Author Name | Page No. |
|---|---|---|
| १ | डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर यांचे लोकशाही आणि धर्मविषयक चिंतन<br>**प्रा. प्रभुदास खाबडे** | १-५ |
| २ | औषधी वनस्पतींच्या चित्रांकन माहिती पुस्तिकेच्या परिणामकारकतेचा अभ्यास<br>**डॉ. प्रतिभा सदाशिव देसाई** | ६-१० |
| ३ | विश्वशांतीचा जैन विचारवंतांचा ध्यास<br>**सौ. विद्या विजय कुरडे** | ११-१२ |
| ४ | भारतीय स्वातंत्र्य चळवळीत स्त्रीयांचे योगदान एक राजकीय विश्लेषण<br>**डॉ. हरिभाऊ पांडुरंग कदम** | १३-१५ |
| ५ | जतचा ऐतिहासिक वारसा सांगणारे श्री रामराव विद्यामंदिर<br>**डॉ. सुरेश मारुती चव्हाण** | १६-२१ |
| ६ | भारतीय पुरातत्त्व संशोधनाची वाटवाल<br>**डॉ. वरेकर निवासराव अधिकराव** | २२-२६ |
| ७ | चेतन्याक मठ ना नाटकांतर्ली प्रतिकात्मकता आनी समाज दर्शन<br>**Darshan S. Kandolkar** | २७-३० |
| ८ | स्त्री साहित्याचा दीपस्तंभ - ताराबाई शिंदे<br>**प्रा. डॉ. रमेश पोळ** | ३१-३५ |
| ९ | महाराष्ट्राच्या सामाजिक वाटचालीतील रमाबाई रानडे यांचे योगदान<br>**प्रा. डॉ. नंदिनी रविंद्र रणखांबे** | ३६-३९ |
| १० | गोंयचे संस्कृतायेचें दायज सांबाळपी नाट्यप्रकार - तियात्र<br>**डॉ. कॉज्मा फेर्नांडीस** | ४०-४३ |
| ११ | निपाणी परिसरातील सत्यशोधक समाजाच्या चळवळीत मारुती जोती रावण यांचे योगदान<br>**प्रा. डॉ. व्ही. आर. पाटील** | ४४-४९ |
| १२ | दलित साहित्यातील : नारायण सुर्वे<br>**प्रो. नर्मदा रा. कुराडे** | ५०-५२ |
| १३ | डॉ. राजय पवारांची 'पावसफुलां' आंगार झेलतना<br>**प्रा. नित्यानंद नायक** | ५३-५९ |

VOLUME - VII, ISSUE - IV – OCTOBER - DECEMBER - 2018
AJANTA - ISSN 2277 - 5730 -IMPACT FACTOR - 5.5 (www.sjifactor.com)

# ७. चेतन्याक मठ ना नाटकांतर्ली प्रतिकात्मकता आनी समाज दर्शन

**Darshan S. Kandolkar**
Assistant Professor in Konkani, Vidya Prabodhini College of Commerce, Education, Computer and Management, Parvari-Goa

"जीव नाशिल्ल्या फातरांच्यो वण्टी उबारुन चैतन्याक बंदी करुं नाकात.चैतन्य आसता अशें व्हांवत्या वाऱ्यात, खळखळटया उदकांत,सळसळटया रगतांत".

नाटक हें समाजाचे पडबिंब जावन आसा आनी प्रबोधनाचें एक उत्तम साधन.समाजांत जे कितें घडटाताचोच प्रत्यय आमकां हांगा दिश्टी पडटा.चैतन्याक मठ ना हे नाटक पुंडलीक नारायण नायक हांणी बरयलें एक समाजीक नाटक.नाटकाचो थोडे भितर नियाळ करतना एक गजाल स्पश्ट जाता ती म्हळ्यार एक ल्हानसो गांव.त्या गावांत सगळे लोक आळशीआसतात.कसलेंच काम कित्याक करपाक जायना हाचें ताचेंकडेन पायलेक पंचवीस अशी कारणां आसातात.अंकुश हे पात्र गावचें चित्र बदलपाल येता.तो चैतन्यकुमार स्वामी गावांत येवपाचो आसा ही खबर हाडटा पूण खबरे बरोबर स्वामी गांवात येवचें खातीरकांय अटी तांच्या मुखार दवरता

स्वामी ज्या गावांत पांय दवरता थंयचें उदक ताका पियेवपाक जाय.ताका खावपाक गांवचीच फळां जाय तशेंच ताच्या स्वागताक फुलां भी गांवचीच लागतली.स्वामीच पवित्र पांय आमच्या गांवाक लागचे ह्या हेतान सगळे गांवचे लोक एकनिश्ठेन काम करपाक लागतात आनी गांवचे जे चैतन्य नाशिल्ले चित्र आशिल्ले ते हळूहळू बदलपाक लागता

## नाटकांतर्ली प्रतिकात्मकता

प्रतिकां हो साहित्याचो प्राण जावन आसा.सहित्यांत प्रतिकांचो योग्य उपेग केल्यार ताका एक वेगळेंच रुप येता.वाचप्याकुंय ते ओडलायणे जाता.ते भायर प्रतिकां वेंचतना लेखकाकूय बरीच काटकसर करची पडटा.आपल्याक जे सुचोवपाक जाय तांकां हें प्रतिक 100% न्याय दितलें काय ना हें लेगीत चितचें पडटा.हें नाटक प्रतिकांच्या बुन्यादीचेरुच उबें आसा अशें म्हटल्यार अतिताय जावची ना.वाचप्याक ताचे स्पश्टीकरण देखींनीं दिवचे जाल्यार पयली नाटकाचें नांवच पळयल्यार चैतन्याक मठ ना.चैतन्य हें प्रतिक कोंकणी शब्दकोशाप्रमाण चैतन्य म्हळ्यार जिवीत,उमेद अशें आसा.तें मनशां भितर आसताआनी तें नासल्यार त्या समाजाक चैतन्य ना अशें म्हणु येता.हांगा लेखकान नाटकाचें नांव दुसरें दवरुं येता आशिल्ले देखीक-गावांत परजळीतपण ना वा एक आळशी गांव पूण वाचप्याचीं नदर केंद्रीत करपाक ताणी ह्या प्रतिकांचो उपेग सुरवातेकच नाटकांच्या नांवाच्या रुपानीं मुदयेर थीक कशें जुस्त वापरला

अंकुश (पान क्रमांक 4)

अंकुश म्हळयार खंयचेय वायट गजालीचेर ठपो लावप वा ती आळांबद हाडप म्हळयार गावांत आळशी लोकांच्या तकलेंतल्या आनी मनांतल्याआळशीपणाक आळबंद हाडपा खातीर हे पात्र सुचकतायेन घेतला.वायटाचो अंत करपी,नाश करपी वायट कृती-थांबोवप हो ताचो शास्त्रीय अर्थ जाता आनी नांव प्रमाण गावांतल्या लोकांक लागिल्ली आळशीपणाचेर अंकुश हे पात्र अंकुश लायता.

चैतन्यकुमार(पान क्रमांक 50-संवादांतल्यान पात्र उबें जाता.)

अशें म्हण्टात " न्हिदिल्ल्याक उठोव येता पूण न्हिदेचें सवंग करप्याक उठोवंक जायना ".नाटकाच्या सुरवातीच्या भागान लोकांचें आळशीपण सरसपणान दिश्टी पडटा.तें आळशीपणाक ना करपाक चैतन्याची घुडी घेवन चैतन्यकुमार स्वामी येवपाचे आसात अशें अंकुश सांगता.गावांत हुशारपण वा चपळताय येवपाची गरज आसा हें ताका कळटा.ती चपळताय गावांत येवची म्हण चैतन्यकुमार स्वामी हें पात्र सुचकतायेन घेतिल्लो दिश्टी पडटा.गावांचे शेणिल्ले चैतन्य चैतन्यकुमार स्वामीच्या येवकार तयारेन गावांत पावता.

**समाजिक दर्शन**

मनशांचो पंगड म्हळयार समाज.समाज हो परिवर्तशील आसता.तर हातूंत कोण बदलता? समाज?तर समाज कोण घडयता? मनशां.एका मनशाच्या वागणुकेंत बदल म्हळयार ताचो प्रभाव पुराय समाजाचेर पडटा आनी हेर मनशांय आपशींच बदलतात आनी समाज हो बदलला अशें आमी म्हण्टात.ह्या नाटकाचो समाज खुपशां बाबतींत आयच्या समाजाकडेन लागीं वता वा वास्तवाक धरुन आसा अशें आमी म्हण्पाक शकता.हे विधान स्पश्ट करपाक अभ्यासाच्या नदरेन सोपें जावचेंम्हण देखीच्या माध्यमांतल्यान स्पश्ट करुया.

सुरवातींच्या तीन देखी पळयल्यार कामाक आपोवपी,शेतकार आनी भाटकार गांवच्या लोकांक कामांक यो म्हण विनवणी करता पूण तिनूय फावटीं तें चड त्रास,कमी पयशें आनी प्रवास ही कारणां सांगून कामांक ना म्हण्टा.तर सुरवातेक आळशीपणाचें चिन्न ह्या गांवच्या लोकाचें प्रतिक जावन आसा.खंयचेय काम कित्याक करप ना ताची वळेरीच ताचें कडेन आसा.

हो समाज कोणाच्याय उलोवपाचेर दोळे धापून विचार करता.देखीक-अंकुश म्हण्टा-"स्वामी चैतन्यकुमाराक सगळो संवसार वळखतात".तेन्ना लोक बेश्ठेच हय म्हण्टा.कोणूच ताका ना म्हण जाप दिना.म्हण्टकच एकलो दोळे धापून विश्वास दवरतकच सगळेच लोक दोळे धापिल्ल्याचें संवग घेतात आनी मोने जावन वावुरतात हें कळटा.

ह्या समाजांत अंधश्रध्दा दिश्टी पडटा.अशें पासून म्हणु येता, ह्या समाजाक लागिल्ली ती एक किड जी ताच्या मुळांक लागता.ताची उत्तम देख म्हळयार अंकुश जेन्ना चैतन्यकुमार स्वामीची खबर सांगता तेन्ना तातूंतलो एकलो भर घालीत म्हण्टा

"स्वामीविशूं हांवें खूब आयकलां तो खंय असो गुठींतल्यान विभूत काडटा जाल्यार तिसरो म्हण्टा "हांवें आयकलां- तागेल्या त्या सदळ झग्यांतल्यान हो वस्तू हातार दैवतात"म्हण्टकीच आयकल्या खबरीचेर

दोळेधापून विश्वास दवरून तांच्या फाटलें सत्य सोदून काडनासतना तें मानपी आनी जगपी हो समाज जंय खंयच नवें जाणून घेवपाची मातूय जिज्ञासा दिश्टी पडना आनी ज्या तरेन गोरवांक एक राखणो धावडायन गोट्यामरेन व्हरता तेच तरेन लोक लेगीत अंकुशाच्या आनी एकामेकाच्या आयकल्या खबरीचेर व्हांवत वता आनी तातूंतल्याच ह्या अंधश्रध्देक पोसवण मेळटा आनी समाजांत अंधश्रध्देचें मूळ आनी घट जायत वता  आनी समाज अज्ञानाच्या गुप्प दाट काळखाच्या गुफेंत खंयचे खंयचे नाच्च जाता.

जाण्टेलो आबू हो गावांत सगळ्यांत वृध्द आसून लेगीत स्वामी विशीं कसल्याच गजालींचेर विश्वास दवरना पूण बारीकसाणेन सगळें आयकून घेता आनी सगळ्याक प्रस्न करता तेन्ना ताच्या प्रस्नान सगळो गांव भानार येता.आबू हे पात्र तर्कवादी विचारसरणीचेर आदारून आसा.तो शिटकावपाचें काम जुस्त करता पूण उमथ्या कळश्यार उदक

अकुंश ह्या पात्राची मांडणी लेगीत लेखकान वेवस्थीतपणान केल्ली दिश्टी पडटा.तो लोकांक हिणसायता,दाटयता,लज करता,मारता,गाळी घालता पूण तातूंल्यान ताचो हेतू साध्य जाता.गांवामुखार आयिल्ल्या एक एक आडीमेळींचेर तो चुटकेसरशी उपाय सुचयता आनी जैताचें सुलूस वाचप्याक जाता.अंकुश गांवच्या लोकांमदीं प्रतिकार शक्तीचो उणीव पळयता आनी ती जागयता.पयली तो आबूचो नातू उदक पिलो म्हण ताका ख्यास्त फर्मायता आनी दुबायीत चोर जो फळ खाता ताका चार दीस उपाशी दवरपाची ख्यास्त दिता आनी ताच्या वायट वागणुकेचो कळस तेन्ना जेन्ना तो स्वामीक एक रातीक एक बायल लागता म्हण सांगता तेन्ना लोक सामकें चाळयतात आनी लोकांची एकजुटी करुन "प्रतिकाराचे" चिन्न सोड्न अंकुश गावांत चैतन्य हाडटा आनी अखेरेक स्वताच चैतन्यकुमार आसता हें कळटा.

गांवच्या लोकांभितर जे चैतन्यची उणीव आशिल्ली ती अंकुशाच्या उतरांनी हळू हळू भरुन येता आनी चैतन्याक उब मेळून कामाक सुरवात जावन सगळे एकजुठीन काम करपाक लागता आनी न्हयकाराचो सुर जो पयली गावांत वारो कसो सगळयांक व्हांवतालो तो आता खंयचे खंय नाच्च जाल्लो दिश्टी पडटा आनी गांवाच्या लोक निमणे ते करुन दाखतात.सगळयांत पयली ते स्वामी चैतन्यकुमारा खातीर व्हड तळें खणून काडटात,ताचे उपरांत स्वामीचो येवकार फुलांनी करपाक जाय देखून तें फुलांचो मळो फुलयतात आनी स्वामीक खावपा खातीर फळांचो मळो पिकयतात आनी अशें तरेन गावांत कश्टाच्या कामांक सुरवात जाता.

थोड्याभितर सांगपाचे जाल्यार चैतन्याचो अविश्कार हो निर्मणातल्यान जाता.निर्मणेचेर निर्मितल्याचो अधिकार आसा आनी चेतनाच तो अधिकार मनशाच्या मनांत जागयता आपल्या अधिकाराचेर घुरी येता तेन्नाच चेतना मनशाक

झगडपाक शिकयता.चेतन्याक कोणूच बंदी करपाक शकना.तो सदा व्हांवत्या आशीकुशीच्या वाऱ्यांत,खळखळटया उदका आनी सळसळटया रगतात आनी ते खातीरुच म्हण्टात चैतन्याक मठ ना.

संदर्भ

1. पुंडलीक नायक,चैतन्याक मठ ना,1992,पयली उजवाडावणी,छापपी हिरु नारायण नायक,प्रकाशन क्र.1
2. संपादपी माधवी सरदेसाय,जाग,संस्थापक संपादपी,स.रवीन्द केळेकार,उजवाडावणी-जयवंत सरदेसाय,दिवाळीनातालां 2011 वर्स: 38 आंक: 2
3. चंद्रकांत केणी,साहित्य –स्वाधाय,उजवाडावणी-सचिव गोवा कोंकणी अकादेमी,प्रकाशन क्र.105
4. संपादक मंडळ,श्याम वेरेंकार,माधवी सरदेसाय,कमलाकर म्हाळशी,कोंकणी भास,साहित्य आनी संस्कृताय,पयली खेप-मार्च 2003,अक्षरजुळणी आनी मुद्रण,सुरेश काकोडकार ओमेगा एन्टरप्राइझेस 1158,वियानगर, मडगांव,403 601.